22.02.2025 National @ 6.30 pm

पीएम 140

प्रधानमंत्री किसान सम्मान निधी पीएम किसान येवजणेचो 19वो हप्तो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोमारा बिहारांतल्या भागलपूरांत जाहीर करतले. हे येवजणेंतल्यान जमीनधारक शेतकारांक वर्सांक 6 हजार रुपया तीन समान हप्त्यांनी दितात.केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या येवजण्यां विशीं जागृताय निर्माण करपा खातीर हो दीस किसान सम्मान समारोह म्हणून मनयतले अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें. देशभरांतल्या 9.8 कोटी परस चड शेतकारांक थेट लाभ हस्तांतरणांतल्यान 22 हजार कोटी रुपयां परस चड अर्थीक मजत मेळटली अशें तांणी सांगलें. शेतकारांचें कल्याण हें मोदी सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा अशें चौहान हांणी सांगलें. पीएम-किसान येवजणे खाला आतां मेरेन देशांतल्या 11 कोटी परस चड शेतकार कुटुंबांक 3.46 लाख कोटी रुपया परस चड रक्कम वितरित केल्यात अशें तांणी सांगलें. देशभरांतल्या 731 कृशी विज्ञान केंद्रांनीय कार्यावळी घडोवन हाडटले असो उल्लेख चौहान हाणी केला. सुमार 2.5 कोटी शेतकार हे कार्यावळींत व्यक्तिगत आनी आभासीपणान वांटो घेतले अशें मंत्री चौहान हांणी सांगलें.

मॉरिशस 120

फुडल्या म्हयन्यांत मॉरिशसाच्या 57व्या राश्ट्रीय दिसा उत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मानाचे सोयरे आसतले. मॉरिशसाचे प्रधानमंत्री नवीन रामगुलाम हांणी संसदेंत उलयताना ही घोशणा केल्या. खास करून ताच्या व्यस्त वेळापत्रकाक लागून अशा विशिश्ट व्यक्तीक येजमानकी दिवप हो मॉरिशसाचो व्हड भोवमान अशें रामगुलाम हांणी सांगलें. भारत आनी मॉरिशस हांचे मदल घटमूट आनी चिरस्थायी संबंध अधोरेखित करून मोदीक येवकार दिवपाच्या

सन्मानाचेर तांणी भर दिलो. मोदी हांणी आपलो खाशेलो सोयरो जावपाक मान्यताय दिल्या अशें रामगुलाम हांणी फुडें सांगलें.

प्रधानमंत्री मोदींच्या हालींच पॅरिस आनी अमेरिकेच्या भेटी उपरांत भारत-मॉरिशस संबंदांचें म्हत्व आनीक स्पश्ट करता. मॉरिशस दर वर्सा १२ मार्च रोजी १९६८ त  ब्रिटिश राजवटीपासून स्वातंत्र्य मेळिल्ल्याच वर्धापन दीस  म्हण 12 मार्चाक आपलो राश्ट्रीय दीस मनयता. फाटल्या वर्सा राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू मॉरिशसाच्या राश्ट्रीय दिसाच्या उत्सवाक मुखेल सोयरी म्हूण हाजीर आशि ली.

रेखा30

दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांणी आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हां ची राष्ट्रीय राजधानींतल्या तांच्या निवासस्थानी भेट घेतली. तशेंच गुप्ता हांणी काल राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हांचीय भेट घेतली.

उर्सुला 75

युरोपीय आयोगाची अध्यक्ष उर्सुला वॉन डेर लेयन ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखे सावन दोन दिसांच्या भारत दौऱ्यार येतली. राष्ट्राध्यक्ष लेयेन हांची ही तिसरी भारत भोंवडी आसतली. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी राष्ट्राध्यक्ष उर्सुला हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर चर्चा करतले अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां. भारत आनी युरोप 2004 सावन धोरणात्मक भागीदार जावन आसात आनी तांचे द्विपक्षीय संबंद वेगवेगळ्या मळार विस्तारीत आनी खोलायेन वाडल्यात. अध्यक्ष लेयेन हांच्या भेटीक लागुन  द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाची वाट मेकळी जातली.

प्रधान 110

भारताक संवसारीक मळार व्हरपा खातीर नव्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची कल्पना केल्या अशें केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी भर दिला. आयज नवी दिल्लींत दिल्ली विद्यापिठाच्या 101व्या दीक्षांत समारोहांत उलयतना राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 (एनईपी 20) देशभर चालीक लावन भारताक 2047 मेरेन विकसीत राष्ट्र करप शक्य आसा अशें प्रधान हाणी भर दिलो. देशाच्या लोकसंख्येपैकी 60 टक्के लोकसंख्या तरणाटे आसून तातूंतले जायते जाण म्हाविद्यालय आनी विद्यापिठांत आसात हें लक्षांत घेवन तांणी विद्यार्थ्यांक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची विकसीत भारताच्या दृष्टिकोनाक मुखार व्हरपाचे आवाहन केले. एनईपी २०२० चालीक लावपा खातीर दिल्ली विद्यापिठाची तोखणाय करून येत्या काळात दिल्ली विद्यापिठाक गिन्यानाचें केंद्र करपाक फुडाकार घेतलो अशी आस्त उक्तायली. दिल्ली विद्यापिठांत विकसीत जाल्या सामाजिक कुशळटायेचो फुडाराक विद्यार्थ्यांक व्हड फायदो जातली असोय उल्लेख प्रधान हांणी केला.

Mankibaat 65

फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भारतांतल्या आनी परदेशांतल्या लोकां कडे आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 119वो भाग आसतलो. हो कार्यक्रम पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्कार,आकाशवाणी न्यूज संकेतथळार आनी न्यूजऑनएअर मोबायल अ‍ॅपाचेर प्रसारीत जातलो. तशेंच आकाशवाणी  न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचें थेट प्रक्षेपण  जातलें. हिंदी प्रसारणा उपरांत आकाशवाणी रोखडोच प्रादेशिक भाशांनी हो कार्यक्रम प्रसारीत करतले.

ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे मुखावले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फाल्या सकाळच्या ८ वरा ४० मीनटाचेर नमस्कार